# PONDA SCHOOL'S ASSOCIATION

## FIRST TERMINAL EXAMINATION OCTOBER, 2018

STD : IX | Sub : KONKANI | Marks : 80

Date : 30-10-2018 | Seat No : ________. | Time : 2 1/2 hrs

---

प्र. १ क) सकयल दिल्ल्या पर्यायांतल्यान फावो तो पर्याय विधानामुखार बरोवन वाक्य पुराय बरयात (३)

अ) फकत तोंडाक मास्क बांदून हें दुयेंस आडावंक शकनात, तर ------------------------

१) दोतोराकडेन वचचें पडटलें.

२) ही म्हायती सगळ्यांक सांगची पडटली.

३) वासिना दिवचीं पडटलीं.

आ) सोरपान एकदां फणो काडलो म्हणटकच --------------------------------

१) तो फुडें तो फाटीं वचूंक शकना.

२) तो मनशाक घास काडटा.

३) तो वर्तुळाभायर धावन वयता.

इ) जे कोण निमणे मेरेन चिकाटी धरून यत्न करतले ------------------------

१) तांकांच जैत मेळटलें.

२) तांकांच नांल मेळटलें.

३) तेच फुडें सरतले.

ख) सकयल दिल्लीं विधानां कंवसात दिल्ल्या पाठांतलीं आसात. तीं वळखून त्या पाठांच्या बरोवप्यांचीं नांवां बरयात. (२)

(कवाथो, पुरण शेत, प्लॉट, यशाची चावी)

अ) मोती उत्पन्न करपी शिंपल्यावरी जायात.

आ) पुरण पोटराक येतकच तिका गोरवां आनी सावदां पासून राखची पडटा.

ग) सकयल दिल्लीं खंयचींय तीन विधानां कोणें कोणांक म्हणल्यांत तें बरयात. (३)

अ) ''पोरसांत असलो एकूच माड आसल्यार पुरो.''

आ) चूक जाली पात्राम चार दीस जाली, आमची मेस्त्री हामचे कडेन झगडली.''

इ) ''मंत्र घालून हांव एक वर्तुळ तयार करतां.''

ई) ''हे तकटे हांव पंचायतीकडेन लायतलो.''



Scanned by DocumentScanner | Lufick

(४)

प्र. २ क) **सकयल दिल्ल्या खंयच्याय चार प्रस्नांच्यो जापो दरेकी ८ ते १० उतरांनी बरयात.**

अ) सुरेखा बाजारांतली भाजी-फळां हाडपाक कित्याक तयार नाशिल्ले?

आ) शितारी बांदपाक कसलें सामान लागता?

इ) यज्ञेश्वर निगळे हाणी पाठांत खंयच्या विखारी जिवाण्यांचो उल्लेख केला?

ई) झेलाचेर चलपाचो सराव कित्याक गरजेचो आसता?

उ) संकरीत विशाणू म्हळ्यार कितें?

(८)

ख) **सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>दोन</u> प्रस्नांच्यो जापो दरेकी ४० ते ४५ उतरांनी बरयात.**

अ) सुरेखाचें झाडांविशींचें आपलेपण कशें तरेन दिसता?

आ) जैताचो उजवाड कोणाक मेळटा अशें विवेकानंदान सांगलां?

इ) पुरणशेती खातीर दर वर्सा जमीन कित्याक तयार करची पडटा?

प्र. ३ क) **सकयल 'ब' गटांत कवितेचीं कडवीं दिल्यांत आनी 'भ' गटांत तांचो अर्थ दाखोवपी वाक्या दिल्यांत त्या त्या कडव्या मुखार अर्थ बरोवन वाक्या परत बरयात.** (२)

| | |
|---|---|
| अ) तळपाचे माळयेक जलामली कनक बा, जलामली कनक | १) तळपाच्या माथ्यार जल्माक आयली कणक. |
| | २) तळपाचे खाचींत जल्माक आयलें एक कणकिचें बेट |
| आ) शिमेर दाटलीं घोर अरिश्टा हिमालयाचीं पेटलीं तेमकां | ३) हिमालयाचीं तेमकां पेटिल्ल्यान अरिश्टा आयल्यांत |
| | ४) शिमेर दुस्मान घात करपाक वाट पळयता. |

ख) **सकयल दिल्ल्यो कवितेच्या वळिंतल्यो रित्यो सुवाती कंसांत दिल्ल्या फावो त्या उतरानी भरून वळी परत बरयात.** (२)

अ) हे सगळें जें सोबीत सुंदर, ही तुजीच -------------- रे. (काया, निर्मणी, माया)

आ) आयल्यात आमी जोडीत -------------- दुस्मानांची मोडून पेंगटा. (पयशे, मनशां, जैता)

ग) **सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>दोन</u> प्रस्नांच्यो जापो दरेकी ८ ते १० उतरांनी बरयात.** (२)

अ) कवी विजयानंद देवालीं कितें मागता?

आ) पालखी घडोवपाक कोणें-कोणें हातभार लायलो?

इ) फौजी कशे तरेन दुस्मानांचेर चाल करून गेले?

घ) **सकयल दिल्ल्या खंयच्याय <u>तीन</u> प्रस्नांच्यो जापो दरेकी २० ते २५ उतरांनी बरयात.** (६)

अ) शंबर शंबर वर्सांपयली आमी कितें करताले शें कवी म्हणटा?

आ) 'देवा, म्हज्या देवा' हे कवितेंत देवाची सासाय खंय खंय पळोवपाक मेळटा?

इ) पावसाचो सभाव कसो आसता?

ई) देवाची पालखी कशी घडयली?



Scanned by DocumentScanner | Lufick

प्र. ४ **क) सकयल वाक्यांत आडी मारील्ल्या उतरांच्या जाग्यार कंसांत दिल्लो फावो तो वाक्प्रचार घालून वाक्यां परत बरयात.** (२)

(काळजांत धस्स जालें, जीव वली जावप, धुमशेण काडप, बेजार येवप)

अ) सोनपाक पळोवन म्हाका भिरांत दिसली.

आ) नुस्त्याचे येवजना फुडें ताका रूच आयली.

**ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन उतरांची उरफाट्या अर्थाची उतरां बरयात.** (२)

अ) जल्म आ) दुस्मान इ) फट ई) मोग

**ग सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन उतरांचीं विशेशणां करून बरयांत.** (२)

अ) गूण आ) विस्वास इ) रान ई) मोग

**घ) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय दोन उतरांचीं भावनामां करून बरयात.** (२)

अ) भुरगो आ) शिटूक इ) व्हड ई) गिरेस्त

प्र. ५ **क) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय ४ वाक्यांनी कंसात दिल्ले सुचोवणे प्रमाण बदल करून बरयात.** (४)

अ) त्या म्हाका येतलो उगडास पिसोळ्यांचो सदांच. **(उतरांची योग्य मांडणी करून वाक्य परतून बरयात.)**

आ) दोरये वयल्यान चलप कठीण काम. **(अर्थ बदलिनासतना न्हयकारी करात.)**

इ) ताणें मेजावयलो दिवो पेटयलो. **(कुरू केल्ल्या उतराच्यो जाती बरयात.)**

ई) तो हात जोडून पांयां पडलो. **(वचन बदलून बरयात.)**

उ) लोकांक तांचें सांघप खोरे दिसूंक लागलें. **(वाक्य शुद्ध करात.)**

ऊ) भयणीक नवें नवें शिकपाची आवड आसा. **(लिंग बदलून बरयात.)**

**ख) सकयल दिल्ली खंयचीय २ अव्ययां वापरून प्रत्येकी एक वाक्य बरयात.** (२)

अ) आरे रे! आ) जाल्यार इ) सवकास ई) तेन्ना

प्र. ६ **क) सकयल दिल्लो संवाद एक जाणटेलो आनी जाणटेली हांचे मदीं आसा तो पुराय करून परत बरयात.** (५)

जाणटेलो : म्हाका दनपरां मात न्हिंदूक मेळना. भायर रस्त्यार भुरग्यांची क्रिकेट चलल्या काय कितें?

जाणटेली : ------------------

जाणटेलो : कोण जाणा-------------

जाणटेली : ------------------

जाणटेलो : हय, कोणाच्या तरी घराच्या जनेलाची कंवची फुटली दिसता.

जाणटेली : तशेंच जायत.

जाणटेलो : ------------

जाणटेली : हय, हय, हांव पळयता.

जाणटेलो : ----------------

जाणटेली : आनीक कितें जातलें? सदांचीच गजाल.



Scanned by DocumentScanner | Lufick

ख) खूप वर्सांनी अकस्मात राजाचो इश्ट सुरेश ताका बसस्टँडार मेळटा. तांचे मदी जाल्लो संवाद ७/८ वळींनी बरयात. (५)

प्र. ७ क) सकयल दिल्लो उतारो वाचून दिल्ल्या प्रस्नाच्यो जापो बरयात. (५)

मनीस पुस्तकां कित्याक वाचता? कितेंय नवें शिकूंक मेळचें म्हूण गिन्यानी जावचो म्हूण, मन रमचें म्हूण, बुद्दीक दिशा मेळची म्हूण, आनी जिवीत कशें जियेवचें तें कळचें म्हूण. पुस्तकां आमकां मनशांचे विचार आनी अणभव दितात. ती आमकां काळखांतल्यान उजवाडांत व्हरतात.

अ) 'पोरणें' ह्या उतराक उरफाट्या अर्थाचें उतर खंयचें दिला?

आ) 'जीण' ह्या उतराक समानार्थी उतर खंयचे दिलां?

इ) पुस्तकां आमकां कितें दितात?

ई) पुस्तकां वाचून कसलो लाव मेळटा?

उ) ह्या उताऱ्याक फावोशें नाव दियात.

ख) सकयल दिल्लो उतारो वाचून कोंकणीत अणकार करून बरयात. (२)

Laughter is necessary in life. If you laugh for a few minutes all troubles will be away from you. It keeps us happy. It also gives us good health.

ग) सकयल दिल्ल्या मुद्यांच्या आदारान योग्य माथाळो दिवन सुमार १०० उतरांची काणी बरयात. (५)

एक राजा --- शिकारेक गेल्ले कडेन ---- शिपाय वाट चुकतात --- राजा रानांत एकलो ---- रानवटी मनीस ताका धरतात ---- तो देवाक मनीस बळी दिवपाचो --- निमाण्या वेळार कळटा राजाच्या हाताक एक बोट ना --- देवाक संपूर्ण मनीस बळी जाय ---- राजा सुट्टा ---- एक बोट उणें आशिल्ल्याची खंत सोंपप ---- देख.

प्र. ८ क) तूं रिना/राजेश शेट, रावता शांती महल, वयलो वाडो, सांगें – गोंय ह्या नाम्यार. हांगा सावन तुज्या इश्टाक/इश्टिणीक मोबायलाचो कसो शिक्षणांत उपेग करूं येता हे सांगपी चीट बरय. (५)

वा

तूं रिता/रितेश नायक रावता बागवाडो कुडचडें – गोंय तुमगेल्या रस्त्यावयल्या गटारांतले घाणीचो खूप त्रास जाता. म्हूण ताचेर उपाय घेवपाक नगरपालिकेच्या अध्यक्षाक चीट बरय.

ख) सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका विशयाचेर निबंद बरयात. (७)

अ) मोडिल्ल्या घराची आपजीण | आ) प्लास्टीक जाय काय नाका

इ) खेळाचें म्हत्व | ई) दर्यावेळेर एक वर

समाप्त



Scanned by DocumentScanner | Lufick